# हाजी शेख हसन हरूण हांच्या मरणाचेर मुख्यमंत्र्याकडल्यान दुख्ख व्यक्त

ता. 6 मे 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंय विधानसभेचे आदले सभापती हाजी शेख हसन हरूण हांच्या मरणाचेर दुख्ख उक्तायला. हाजी शेख हसन हरूण हांका थोड्या काळाच्या दुयेंसान आयज मरण आयले.

हाजी शेख हसन हरूण हांच्या मरणाचेर दुख्ख उक्तायतान मुख्यमंत्री म्हणटा, तांणी मुरगांव विधानसभा मतदारसंघातल्यान वेंचून येवन आपल्या राजकीय कारकिर्दीक सुरवात केली. ते आदले न्यायाधिश आशिल्ले आनी तांणी अर्थीक उदरगत म्हामंडळाचे अध्यक्ष म्हुण काम केला. तशेंच ते वेवसाय सल्लागार समितीचे अध्यक्ष आशिल्ले.

सर्गेस्त शेख हसन हरूण हांणी राजकीय आनी सामाजीक मळार भरपूर योगदान दिला. एक मंत्री म्हुण तांणी उद्देग, कायदो आनी भलायकी ह्या सारखी म्हत्वाची खाती सांबायळ्यात. तांच्या मरणान गोंय एका व्हड राजकारण्याक मुकला आनी तांच्या मरणान निर्माण जाल्ली पोकळी भरून येवप कठीण आसा.

हांव सर्गेस्त शेख हसन हरूण हांच्या दुखेस्त कुटुंबाक म्हज्यो अंतस्करणातल्यान सहानुभूती कळयता, अशें मुख्यमंत्री म्हणटा.

म्हा /सप/ ऑप/ विगां/ 2021/468

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji